**Panaji National**
**20 August 2026 6.30PM**

**Amit Shah Chairs 31st South Zonal Council Meeting in Mahabalipuram**

दक्षिण विभागीय परिशदेची 31वी बसका आयज चेन्नई लागसारच्या महाबलीपुरम हांगा केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह हांच्या अध्यक्षतेखाला जाली. हे बसकेंत तमिळनाडू,कर्नाटक, केरळम आनी आंध्र प्रदेशाचें मुख्यमंत्री, तेलंगणाचे उपमुख्यमंत्री, तशेंच पुद्दुचेरी आनी अंदमान-निकोबार जुव्याचें लेफ्टनंट गव्हर्नर आनी वेगवेगळ्या मंत्रालयांतले वरिश्ठ अधिकारी हाजीर आशिल्लें. ह्या बसकेंत, म्हत्वाच्या आंतरराज्य प्रस्नांचेर, अंतर्गत सुरक्षा, उद्देगीक उदरगत, शिक्षण आनी भलायकी सेवा हांचेर चर्चा जाली. तशेंच, बायलां आनी भुरग्यां आड जाल्ल्या गुन्यांवांची बेगीन चवकशी आनी निवाडो करपा खातीर स्थापन केल्ल्या 'फास्ट ट्रॅक खाशेल्या न्यायालयांच्या' प्रगतीचोय तांच्यांनी नियाळ घेतलो आनी प्रादेशिक उदरगती खातीर केंद्र सरकार आनी राज्यांमदीं सहकार्याचेर भर दिलो.

**Leaders Pay Homage to Former PM Rajiv Gandhi on Birth Anniversary**

आयज उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन हांणी आदले प्रधानमंत्री राजीव गांधी हांका तांच्या जयंतीनिमतान श्रद्धांजली दिली, तशेंच देशाची भक्ती, सेवा आनी भौशीक जिणे खातीर तांणी दिल्ल्या योगदानाचोय उगडास केलो. ह्या वेळार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणीय आदले प्रधानमंत्री राजीव गांधी हांका श्रद्धांजली दिली.

**India and Japan Deepen Defense and Maritime Security Ties**

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आनी तांचो जपानी समकक्ष शिंजीरो कोइझुमी हांणी आयज नवी दिल्लींत जाल्ले भारत-जपान संरक्षण मंत्र्यांचे बसकेचे सह-अध्यक्षपण केलें. दर्यावेल्या सुरक्षा सहकार्या विशीं दोनूय फुडाऱ्यांनी समन्वय पत्राचेर स्वाक्षरी करून रणनिती, आत्मविस्वास निर्माण करप, संयुक्त लष्करी सराव आनी 'मेक इन इंडिया' संरक्षण उपक्रमांचेर चर्चा केली, हें वेळार संरक्षण मंत्र्यांनी सांगलें

जपानांत हालींच जाल्ल्या भूंयकांपा विशीं दुख्ख उक्तायतना संरक्षणमंत्री राजनाथ सिंग हांणी मुक्त आनी नेमाचेर आदारिल्लो भारत-पॅसिफिक सुनिश्चीत करपा खातीर दोनूय लोकशाय देशांनी वांटून घेतिल्ली जापसालदारकी रेखांकित केली. जाल्यार कोइझुमी हांणी भारतीय सशस्त्र दळांच्या वेवसायीकपणाची तोखणाय केली आनी प्रादेशिक शांतताये खातीर तांची परस्पर वचनबद्धताय नदरेक हाडली.

**War of Words Erupts Between BJP and Congress Over 'Vande Mataram'**

'वंदे मातरमा'ची फकत दोन एरिया गावपाच्या काँग्रेसीच्या निर्णयाचेर केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हांणी खर टिका करून ताका 'तुष्टीकरणाचें राजकारण' आनी 'वोट-बँकेचें राजकारण' अशें म्हणटना सांगलें...(byte) दशकां पयला ह्या गीताची इतिहासीक विभागणी जालें उपरांत केंद्र सरकारान अधिकृत कायदेशीर मान्यताय दिवन तें सुदारलां अशें घरमंत्र्यांनी म्हटलां. ह्या आरोपांक जाप दितना काँग्रेसीचें खासदार के.सी.वेणुगोपाल हाणी १९३७ सावन हें गीत गावपाच्या पक्षाच्या परंपरेचो बचाव केलो, तशेंच हें गीत काँग्रेसीखातीर राजकी साधन न्हय जाल्यार भावनीक दायज आसा अशें ताणी स्पश्ट केलें.

**SC NEET Protest Panel**

हालींच दिल्लींत विद्यार्थी निदर्शकांचेर पुलिस आनी सुरक्षा कर्मचाऱ्यांनी बळगें चड वापरिल्ल्याचो आरोप, तशेंच पुलीस कर्मचाऱ्यां आड जाल्ल्या हिंसाचाराची चवकशी करपा खातीर सर्वोच्च न्यायालयान आदले न्यायाधीश न्यायमूर्ती आर.सुभाष रेड्डी हांच्या फुडारपणा खाला पांच वांगड्यांची उच्च पातळेची चवकशी समिती स्थापन केल्या.

**Weather**

भारतीय हवामान खात्याच्या अदमासाप्रमाण फाल्यां छत्तीसगढ आनी उदेंत मध्य प्रदेशांत व्हड पावस पडपाची शक्यताय असून ह्या वाठारांखातीर 'ऑरेंज अलर्ट' जारी केलां. तशेंच फुडल्या दोन दिसांत उत्तर प्रदेश, बिहार, उत्तराखंड, हिमाचल प्रदेश, ओडिशा, सिक्किम आनी उपहिमालयन अस्तंत बंगाल ह्या वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास असून राजस्थान, झारखंड आनी आंध्र प्रदेशांत वादळी वाऱ्या वांगडा गडगड येवपाची शक्यताय आसा.

**Sports**

बॅडमिंटनांत ट्रेसा जॉली आनी गायत्री गोपीचंद ही भारतीय बायलांची जोडी  नवी दिल्लींत चालू आशिल्ल्या BWF  वर्ल्ड चॅम्पियनशिपांत क्वार्टर फायनलींत पावल्या. ह्या भारतीय जोडयेन तोखणायेची कामगिरी करून जपानाक हारयलां.